# इफ्फी महोत्सव कार्यक्रम वांठारांत  जमाव बंदी

ता. 13 नोव्हेंबर  2025

उत्तर गोंय जिल्होन्यायदंडाधिकाऱ्यान गोंयांत जावपी 56  व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाच्या फाटभुंयेर इफ्फीचे कार्यक्रम जावपी पणजी आनी कुठ्ठाळी पुलीस स्टेशनाच्या हद्दीतल्या थळांसावन सरभोवतणच्या 500 मिटर वाठारांतलो खंयचोय भौशीक जागो, पायण, गल्ली, रस्तो, चौक वा खंयच्याय उकत्या जाग्यांचेर पाच वा चड व्यक्ती जमा जावपाक आनी मिरवणूक काडपाक वा आयोजीत करपाक, आर्मां वा लाठीं, तरसादीं, भालें वा सुऱ्या सारखी शस्त्रां लागीं बाळगूपाक, लाऊडस्पिकराचो वापर करपाक, घोशणां दिवपाक आनी माराण लावपाक बंदी लागू केल्या.

कामावयले लोकसेवक, परवानगी आशिल्ले लग्न सुवाळे, अंतविधी वा खंयचोय खास प्रसंग वा जिल्हो न्यायदंडाधिकारी, अतिरिक्त जिल्हो न्यायदंडाधिकारी, उपविभागीय न्यायदंडाधिकाऱ्यांच्या मताप्रमाण विश्वसनीय प्रसंग जाका संबंदीत जिल्हो न्यायदंडाधिकारी, अतिरिक्त जिल्हो न्यायदंडाधिकारी वा उपविभागीय न्यायदंडाधिकाऱ्यांकडल्यान पुर्व लेखी परवानगी घेतल्या ताका ही बंदी लागू ना.

हो आदेश 19  ते 28  नोव्हेंबर 2025 दिसा मेरेन लागू उरतलो.

म्हा /सप/    / विगां/ 2025/876

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.